नाना शंकरशेट

• शिवानंद रिवणकार

16.1.83

राजहंस वितरण

व्हड मनीस : ३

नाना शंकरशेट

शिवानंद कृष्णा रिंवणकार

मोल : चार रुपया

☐ उजवाडावपी / वितरावपी

प्रभाकर द. भिडे - राजहंस वितरण
सम्राट - अशोक थिएटरालागीं
पणजी - गोंय, ४०३ ००१
फोन : ५५८७

☐ प्रकाशन क्र. २२ : पयली उजवाडावणी : वर्स १९८३

© शिवानंद कृष्णा रिवणकार बांदिवडे, फोंडें, गोंय

☐ मुखपृष्ठ आनी सजावट : राजीव शिंदे, पणजी

☐ मुखपृष्ठ छापणावळ : काझ. जे. डी. फर्नांडीस, पणजी

☐ छापणावळ : अपुरबाय प्रिंटर्स, वळवय फोंडें, गोंय

मुंबय

मुंबयचें नांव कोणांक खबर ना ? थोडयांनी जरी मुंबय पळयलीना तरी मुंबयचें नांव मात सगल्यांक खबर आसा. कारण मुंबय हें भारतांतलें अेक सगळयांत मोटें शार आसा. अितलेंच न्हय तर संवसारांतलें अेक प्रसिद्ध आनी म्हत्वाचें शार म्हणून सगळया लोकांक खबर आसा.

पुण ही गजाल आतांची. कांय वर्सां पयलीं मुंबय म्हणजे अेक पडंग सुवात आनी मनशाची वस्ती अशी नाशिल्लेच अशे जुंवें, (तरी थोडे खारवी थंय रावताले.) जशें कितें वाळवंटूच. हाचें नांव लेगीत कोणांक खबर नाशिल्लें.

१४९८ वर्सा, मायाचे १७ तारखेक वास्को-द्-गामा हो पुर्तूगेज मनीस भारतांतल्या कालिकत गांवांत आयलो. ताज्या फाटल्यान पुर्तूगेजान आंजदीव, दमण, दीव, गोंय, बांद्रा, चॉल, मुंबय अशे हेर प्रदेश घेतले. गोंय, दमण, दीव हे आपणाकडेन दवरपाखातीर तांकां कितल्योशोच लडायो करच्यो पडल्यो. अितलो तो भारतीय प्रदेशाक आशेल्लो. अशा ह्या मनशाक लेगीत मुंबय नाका जाली. १६६१ वर्सा पुर्तूगालच्या राजान आपले धुवेच्या लग्नावेळार मुंबय हो जुंवों अिंग्लंडच्या राजाक, चार्लस दुसरो हाका हुंडो म्हणून दिलो.

१६१२ वर्सा अिंग्लिशान जहांगीर बादशहाची परवानगी घेवन सुरत गांवांत आपलें व्यापारी केंद्र अुगडलें. अिंग्लीश आनी पुर्तुगेज हांची दुसऱ्यालें बळकावपाची वृत्ती शिवाजीक खबर आशिल्ली म्हणून शिवाजी तांकां पयस करतालो. शिवाजीचो भंय दिसल्या कारणान अिंग्लिशान हे मुंबयचो अुपेग करपाचें थारायलें. १६६८ वर्सा अिंग्लंडच्या राजाकडल्यान ह्या अिंग्लिश व्यापाऱ्यांनी (ईस्ट अिंडीया कंपनी)हो जुंवों भाडयान घेतलो. मुंबयच्या ह्या अिंग्लिश व्यापाऱ्यांक लागून बाकीच्या भागांतले व्यापारी थंय वचूंक लागले. या व्यापाऱ्यांमदीं नानाचो आजो बाबुलशेट हो सुद्धा मुंबय आयलो. फुडें ह्या बाबुलशेटीच्या नातवान आपल्या कर्तबगारीन मुंबयक आयचें रूप दिलें. आतां आमी तांचें कार्य पळोवया.

जल्म आनी भुरगेपण

ठाणे जिल्ह्यांत शहापूराक तेंकून मुरबाद नांवाचो अेक गांव आसा. हो नानाल्या जाण्टेल्यांलो गांव. नानालो शेणजो (पणज्याचो बापूय)नारायणशेट ह्या गांवांत रावतालो. नारायणशेट हांचो पूत माणिकशेट हाणेंय ह्याच गांवांत आपलो व्यापार–धंदो केल्लो. पुण माणिकशेटीलो पूत बाबुलशेट हाणें मात घोडबंदर हांगच्या व्यापाऱ्या बरोबर मुंबय लेगीत अेक व्यापारी केंद्र अुगडलें आनी आपल्या पुताक शंकरशेटीक जवाहिराचें दुकान आनी पयशे व्याजाक दिवपाची पेढी घालून दिली. १८०० वर्सा शंकरशेटील्या तिजोरेंत १६ लाख रुपया कॅश आनी दोन लाख रुपयांचे जड जवाहीर आशिल्ले. (ही किंमत त्या वेळावयली.) अशे तरेन शंकरशेट हो अेक व्हडलो व्यापारी आशिल्लो. गुजराती, पारशी, अिंग्लीश ह्यो भासो ताका कळटाल्यो.



फेब्रेराचे १० तारखेक १८०३ वर्सा नाना अुर्फ जगन्नाथ हाचो मुंबयत जल्म जालो. ताच्या बापायचें नांव शंकरशेट आनी आवयचें नांव भवानीबाई आशिल्लें. तांचें आडनांव मुर्कुटे पुण आयज शंकरशेट हेंच तांच्या वंशजांचें आडनांव जालां.

मराठी आनी संस्कृत भाशेंतले विद्वान तशेच नांवलौकीक मेळयिल्ले अिंग्लीश मास्तर रॉबर्ट मर्फी आनी मेनवारींग हांकां शंकरशेटीन आपल्या पुताक शिकोवपाक नेमले. फुडें शंकरशेटीन नानाची मूंज बांदली आनी त्या अुपरांत ताका लग्न करुन जमनाबाई ही सून हाडली.

आतां नाना व्हड जाल्लो. बापायच्या कामधंदयांत मदत करूंक लागिल्लो. अितल्यांत अेका दिसा मोठी दु:खाची गजाल घडली. तांचो बापूय १८२२ वर्सा देवागेर गेलो. तांची आवय तर तो चार वर्सांचो आसतनाच देवागेर गेल्ली. संवसारांत नाना अेकटो पडलो.

माकडांक मनीस करपाक सुरवात

विद्या प्रसाराचें काम

माकड हे मनशांचे पूर्वज अशें संशोधनावरवीं कळून आयलां. या पूर्वजांचे आमी वंशक, म्हणचे आमीय माकडूच. पुण शेपडचो नाशिल्ले. ख्रिस्तवासी लुईश-द-मिनेझीस ब्रागांझा सांगता, 'मनशाक ज्ञान ना जाल्यार जनावरां आनी मनीस हातूंत कांयच फरक ना.' आतां ह्यां माकडांक मनीस करपाचें नानान थारायलें. नानालें हें सगळयांत व्हड आनी म्हत्वाचें काम.

त्या काळांत शिक्षणाचो प्रसार करप म्हणचे वादळांत दिवो पेटोवप. सरकार आशिल्लो तो परकी, स्वार्थसाधू. आपल्या सुवार्थाक लागून माणसुकीची, नितीची कसलीच पर्वा करनासतना दादलो, बायल हें लेगीत पळयनासतना सगल्यांचो छळ करून आपली भर करतालो. अिंग्लिशान नबाबांक नागयिल्ले. अयोध्येच्या बेगमांचो छळ केल्लो. नानान स्वत:चे पैशे मोडले. फंड अुबो केलो. ह्या काचूट सुवार्थी अिंग्लीश सरकाराक पैशे मोडपाक लायले आनी आयच्या मुंबयची बुनयाद घातली.

आगस्टाचे अेकविसावेर १८२२ वर्सा नानान 'नेटीव अेज्युकेशन सोसायटी' नांवाची अेक संस्था स्थापन केली, शिक्षणाचो प्रसार करपाखातीर. शाळा अुगडल्यो, मास्तर नेमले. ताच्या अुपरांत ताणे

गव्हर्नरांच्या वो मोटया मनशांच्या अुगडासाखातीर फंड अुबाल्लो. एलफिन्स्टन कॉलेज, ग्रँट मेडिकल कॉलेज, पेरी प्रोफेसरशीप ऑफ ज्युरिस्प्रुडन्स नांवाचें कायद्याचें कॉलेज, (भारतांतलें पयलें) सर जीजीभाय जमशेटजी स्कूल ऑफ आर्ट हें चित्रकलेचें कॉलेज स्थापन केलें. अशे तरेन सगल्या तरेचें शिक्षण दिवपाची शाळा-कॉलेजां ताणी मुंबयंत अुबी केलीं.

गव्हर्नर वो व्हड मनशांच्या अुगडासाखातीर पैशे अुबे करप हाच्याशिवाय दुसरो मार्ग तेन्ना नाशिल्लो. स्मरणाच्या निमतान जायना पुण ह्यो संस्था अुब्यो जाल्यो आनी शिक्षणाची सोय जाली.

ह्या संस्थांक दिल्ल्या देणग्यांभायर नानान शिक्षणाखातीर खूब पैशे मोडल्यात. अेकदां नाना चौपाटेर पासयेक गेल्लो. तेन्ना थंय भुरगीं भोंवतालीं तीं नानान पळयलीं आनी ताणीं थंय अेक शाळा अुगडली. अितलेंच न्हय तर तीं भुरगीं गरीब आशिल्ल्यान तांकां शिकपाक पाटी, पुस्तकां लेगीत नानान घेवन दिलीं.

दोतोर विल्सन ह्या अिंग्लीश मनशान चलयांखातीर अेक शाळा अुगडपाची थारायली. पुण तांकां कोणूच जागो दिना जालो. त्या वेळार नानान तांकां आपल्या वाडयांत शाळा अुगडपाक जागो दिलो.

भारताचो आजो दादाभाय नौरोजी हाणी नेटीव लिटररी सोसायटी स्थापन केली आनी बायलांक शिक्षण दिवपाचो यत्न केलो. ह्या वेळार नानान तांकां मदत केली आनी अेक शाळा चलोवपाची जबाबदारी आपणे घेतली. आजूय नानाच्या वाडयांत ही कन्याशाळा चालू आसा. गिरगावांत इग्लीश-मराठी हायस्कूल अुगडलें. ह्या अिस्कोलांतल्या मास्तरांचो अर्दो पगार नानाक दिवचो पडटालो. ह्यो शाळा अुगडटना नानाक खूब त्रास घेवंचे पडले. दर अेकल्याच्या घरांत

वचून तांच्या आवय-बापायची मनां बदलची पडलीं. तांकां शिक्षणाचें म्हत्व पटोवन दिवचें पडलें. शाळा कॉलेजां अुगडलीं. पुण भुरग्यांक आवय-बापूय शाळा कॉलेजांत धाडूंक तयार ना. पुस्तकांक हात लायल्यार भश्टता म्हणटाले. कॉलेजांच्या बाबतींत लेगीत हेंच घडलें. प्रेत चिरपी किंवा चिरतना तें पळोवप म्हणजे धर्मा आड, पाप कर्म आसा अशें लोक समजताले. दोतोरकी शिकपाच्या लायकीच्या भुरग्यांच्या आवय-बापायचे गैरसपज पैस केले आनी भाऊ दाजी लाड अनंत चंद्रोबा डुकले, आत्माराम पांडुरंग हांकां दोतोरकी शिकोवपाक फुडें काडले. अितलेंच न्हय तर नानान जायते जाणांक कॉलेजांतलें शिक्षण शिकूंक पैशे दिले. ते जात धर्म मानिनासतना सगळ्यांक आपल्या भुरग्यां-सारके मानताले, तांचेर प्रेम करताले. तांच्यो अडचणी पयस करताले.



नानाचें मराठीचेर आनी संस्कृत भाशेचेर खूब प्रेम आशिल्लें. पुण्यांतली संस्कृत शाळा बंद करपाचो प्रश्न शिक्षण खात्याकडे आयलो तेन्ना सगळया सभासदांनी ती बंद करपाचें थारायलें. पुण नानान अेकट्यानूच ताका विरोध केलो आनी शाळा चालू दवल्ली. नानाचें संस्कृत भाशेवयलें प्रेम पळोवन तांच्या पुतान विनायकराव हाणी विद्यापिठाकडेन तीस हजार रुपया दवरून भौमानेस्त जगन्नाथ शंकरशेट संस्कृत शिष्यवृत्ती दवल्ली.

बाटाबाटीक विरोध

सगल्यांत पयलीं पुर्तुगेजान गोंयांतल्या लोकांक बाटोवन किरिस्तांव धर्म पाताळावपाचो यत्न केलो. पुर्तुगेज आनी इंग्लीश हांचे पंथ वेगळे. पुर्तुगेज कॅथॉलीक पंथाचे तर इंग्लीश प्रोटेस्टंट पंथाचे. तरी इंग्लीशान लेगीत लोकांक बाटोवन किरिस्तांव धर्म वाढोवपाचो यत्न केलो. पुर्तुगेजाभशेन रानवटी अत्याचारी मार्ग इंग्लिशालो नाशिल्लो.

१८३८ वर्सा धनजीभाओी नौरोजी आनी होर्मसजी पेस्ताना ह्या दोन पारशी भुरग्यांक किरिस्तांव केले. मागीर पारश्यांनी कोर्टांत केश केली पुण ती इंग्लिशांच्या फावराद जाली. कितें बरें आनी कितें वायट हें त्या जाणट्या भुरग्यांक समजता अशें कोर्टान सांगलें.

त्या अुपरांत पारश्यांनी अेक सभा घेतली. नानाक हे सभेक आपयलो. सरकाराकडे अेक शिष्टमंडळ व्हेलें आनी सरकार धार्मिक बाबतींत धवळाधवळ करचोना अशें अुतर घेतलें.

चार-पांच वर्सां फुडली गजाल. पारशी भुरग्यांभशेन हिंदू भुरग्यांनी लेगीत किरिस्तांव जावपाक सुरवात केली. नारायण गोविंद

शेषाद्री नांवाचो तेलंगी भट, पाद्र्याल्या शाळेंत शिकयतालो. ह्या मास्तराक पगार आशिल्लो, म्हयन्याक वीस रुपया. १८४३ वर्सा तो किरिस्तांव जालो. मागीर ताका परत हिंदू करपाक लागून नानान आनी बाळ शास्त्री जांभेकर हाणी यत्न केलो. हिंदू शास्त्री पंडितांनी सांगल्याप्रमाणे त्या बाटक्या भटाक आनी तांच्या फुडयांत रावतल्या धाकटया भावाक काशीक व्हरून हाडलो.

अिंग्लिशालें हें बाटोवपाचें प्रकरण बंद करपाक लागून नानान निशेद सभा घेतल्यो. किरिस्तांव धर्मा संबंदीचे पुस्तकांतले धडे बदल्ले आनी हजारो लोकांच्यो स्वाक्षरी घेवन सरकाराक अेक अर्ज केलो. अशे तरेन नानान बाटाबाटीचें प्रकरण बंद केलें.

मुंबयतल्यो सुधारणा

ज्या भागांत अिंग्लीश लोक रावतात त्याच भागांत अिंग्लीश लोक सुधारणा करताले. १९३४ वर्सा जेन्ना नाना जे. पी. म्हणून निवडून येवंक लागले तेन्ना सावन ताणी बाकीच्या भागांत सुधारणा करपाक सुरवात केली. रस्त्यावयलो कोयर काडून रस्ते नितळ करूंक लायले. मुंबय निवळ दवरपाचो यत्न केलो. रस्त्यार गॅसबत्ती लायली. जमनीतल्यान गटारां व्हेलीं. अुदक मेळना थंय बांयों माल्ल्यो. चोरयो ना करपाक पुलीस दवल्ले. आज सगल्यो नगरपालीका चड करून हींच कामां करतात आनी हींच तांचीं मुख्य कामां आसात.

राणीची बाग

आज मुंबय अेक नांवाजतें शहर जालां. आतां हे मुंबयचें

वेगळेपण कितें ? जाणां तुमी ? 'राणीची बाग' आनी 'आल्बर्ट म्युझियम.' हीं दोनूय नानान बांदलीं. नानाक फुलझाडां खूब आवडटालीं. हीं झाडां बलायकेचे नदरेन गरजेचीं आसात. झाडांचे सावळेंत रावल्यार थंड दिसता. फुलांचो वास घेत रावचेंशें दिसता. अशे तरेन ह्या झाडांनी मनशाक अेक तरेचें सुख मेळटा. हाका लागून नानान राणीची बाग तयार केली.

आल्बर्ट म्युझियम

डॉ. ब्यूस्ट हो अेक छंदी मनीस. कला कुशळतायेचो तसोच अुद्येगाचे नदरेन म्हत्वाच्यो अशो वस्तू अेकठांय करून दवरपाचो ताका नाद आशिल्लो. अेकदां लंडनाक अेक संवसारीक स्वरुपाचें प्रदर्शन भल्लें. ह्या प्रदर्शनाक भारतांतल्या वेगवेगळ्या भागांतल्यो कितल्योशोच कला कौशल्याच्यो वस्तू दवल्लेल्यो. प्रदर्शन जातकीच ह्यो वस्तू भारतात हाडल्यो आनी मुंबयच्या टाऊन हॉलाकुशीक अुडयल्यो. त्यो थंयच पडून आशिल्ल्यो. डॉ. ब्यूस्ट, डॉ. वर्डवुड, पुरुसोर सिकलेअर हांचें लक्ष थंय गेलें. त्या वस्तूंचें अेक संग्रहालय अुबारपाक नानाक सांगलें. मागीर नानान आनी त्या ग्रहस्थांनी या संबंदीची अेक येवजण सरकाराकडेन धाडली. हे गजालीक खूब वेळ जालो. सरकाराकडल्यान कांयच जाप आयलीना. तेन्ना नानान सरकाराक सांगलें, हे येवजणेक लागता ती मदत आपूण करुंक तयार आसां. फुडें १८६२ वर्सा फंड अुबारून हें संग्रहालय बांदलें.

राज्यपाल सर बार्टल फ्रिअर हांचे अुपस्थितींत नानान राणीची बाग आनी प्रिन्स आल्बर्ट म्युझियमाचें अुक्तावण केलें. आज हीं मुंबयचीं खाशेलेपणां थल्ल्यांत.

बादशाही नाट्यगृह

नाटक हें अेक करमणुकीचें तशेंच ज्ञान आनी मनोरंजनाचें साधन आसा. देणग्यो मेळोवन नानान अेक थिअेटर बांदलें. फुडें तें जिजीभाय हांकां पन्नास हजार रुपयांक विकचें पडलें. त्या अुपरांत आनी अेक थिअेटर बांदपाखातीर नानाच्या अध्यक्षते सकल अेक सभा घेतली. फंड अुबाल्लो, नानान ग्रँटरोड भांगांतली आपली जमीन दिली आनी १०-२-१९४६ दिसा "व्हेनिस नगराचो व्यापारी" या नाटकांतले कांय प्रवेश दाखोवन या थिअेटराचें अुक्तावण केलें. दोतोर भाअु दाजी लाड हांच्या पालवान नानान 'गोपीचंद्र' हें पयलें हिंदी नाटक या थिअेटरांत दाखयलें.

बाळंटींचे हॉस्पिटल

बाळंनपण बरेभशेन जायना जाल्यार बांळटिच्या जिवाक भिरांत-धोको आसता. बाळंतपणात जायत्यो गुरवारी आनी भुरगीं मरतालीं हांचेवेल्यान बांळटींचें हॉस्पिटल कितल्या गरजेचें हें स्पश्ट जाता. हें हॉस्पिटल बांदपाखातीर नानान आनी जमशेटजीन अेक अेक हजाराची देणगी दिली. बाकिच्याकडच्यान अेकंदर धा हजारांची देणगी मेळयली. जिजीभाअीन ग्रँट मेडिकल कॉलेजाकडचो आपलो जागो हॉस्पिटल बांदपाक फुकट दिलो. जिजीभाअीचें नांव दिल्यार आनी पंदरा हजार जिजीभाअीकडच्यान मेळटले म्हणून नानान हॉस्पिटलाक जमशेटजीचें नांव दिलें. अशेतरेन १८५० वर्सा मुंबयत बांळटींखातीर पयलें हॉस्पिटल बांदलें.

सोनापूर मसण

जल्माक आयिल्लो मनीस मरतलो हें सांगपाक ज्योतिशाची गरज ना कारण आज मेरेन पिकिल्लीं पानां झडल्या बगर रावंक नात सवायशें-देडशें वर्सांचो मनीस आमकां पळोवंक मेळना. मेल्या अुपरांत मेल्ल्याचो देह लासून वो पुरून अुडोवंक जाय. नाजाल्यार ताका घाण येता. अितलेंच न्हय ताका किडे पडून रोगराय पसरपाची शक्यता आसता. म्हणून मेल्ले प्राणी, मनीस वो जनवरां मेळत थंय अुडयनासताना तांचो योग्य तरेन विलो लावप सामकें गरजेंचें आसता. त्यावेळार मुंबयचे लोक मेळत थंय मेल्ल्यांक लासताले, पुरताले. पुरिल्लीं प्रेतां कोले, कोलसुणे तीं अुसतिताले आनी हळशीक करताले. हें ना करपाखातीर थरावीक अेका जाग्यार हो अंत्यसंस्कार करपाचें नानान थारायलें. वण्टीचो आडस अुबो करून स्मशानभूमी निर्माण करपाखातीर फंड अुबो केलो. सोनापूर आनी वाळकेश्वर या भागांत स्मशानभूमी अुबारपाक नानान आपली जमीन दान केली.

अिंग्लिश लोकांक सोनापुरांतले मसणीचो त्रास जावंक लागलो. डॉ. लीथ हाणे बलायकी आनी जल्म-मरण संबंदीचो अहवाल सादर करतना सांगलें, मुसलमानाच्यो मसणी बलायकेक हानीकारक आसात त्याचप्रमाणें हिंदूच्या मसणीतल्यान येता त्या धुंवरान लोक दुयेंत पडटात. हेंच लोकांच्या मरणाचें मुखेल कारण आसा. आनी ह्यो स्मशानभूमी बंद करपाची ताणे सरकाराक विनंती केली. अुपरांत अिंग्लिशान ह्या स्मशानभूमीचेर बंदी घालपाचें थारायलें. पुण नानान तांकां सामको विरोध केलो. म्हणूनच आज आमकां सोनापुरांत ह्यो मसणी दिश्टी पडटात. आयज नानाची याद म्हणून थंय तांचो अर्ध पुतळो बसयिल्लो आसा.

अुदकांतल्यान येरादारी

इंग्लीश भारतांतल्यान इंग्लंडाक आनी इग्लंडांतल्यान भारतात बोटीन येताले-वताले. पुण तांच्यो बोटी सरकारी कंपनीच्या लोकांखातीर आशिल्ल्यो. बाकी जनतेक तांचो फायदो मेळनाशिल्लो. शिवाय अुदकांतल्यान प्रवास करप, म्हाल हाडप व्हरप सोपें, कमी खर्चाचे आनी फायद्याचें आशिल्लें. हाचो फायदो मुंबयकारांक मेळचो म्हणून नानान यत्न केलो.

देशांतल्या देशांत अुदकांतल्यान येरादारी सुरु करपाखातीर १८४५ वर्सा बॉम्बे स्टीम नॅव्हीगेशन कंपनी नानान स्थापन केली. नानाच तिचो मुखेल आशिल्लो. सुरवातीक ह्या कंपनीचें भांडवल आशिल्लें धा लाख रुपया. शेअर विक्रिच्या रुपान ते उबें केल्लें. ह्या कंपनीच्यो चार-पांच बोटी आशिल्ल्यो.

रेल्वे

१८३२ वर्सा इंग्लंडात रेल्वे सुरू जाली. ह्या रेल्वेचो इंग्लंडच्या लोकांक खूब फायदो जातालो. प्रवासाक तशेंच म्हाल हाडपा - व्हरपा खातीर रेल्वेचो खूब अुपेग जातालो. नानाक हें खबर आशिल्ल्यान ताणें भारतांत रेल्वे सुरु करपाची थारायली.

१८४३ वर्सा भारतांत रेल्वे सुरू करपाखातीर 'दी इंग्लंड रेल्वे असोसियेशन' नांवाची अेक संस्था स्थापन केली. नाना फ्रामजी कासावजी, बम्मनजी होर्मसजी तशेंच युरोपीयन आदि हे संस्थेंत आशिल्ले. पांच पौंडांचो अेक अशे लाख शेअर्स कंपनीन काडिल्ले आनी भांडवल अुबें केल्लें. नाना हे कंपनीचे पयले डायरेक्टर आशिल्ले.

३१-१०-१८५० दिसा शींव गांवांत डायरेक्टर नानाच्या समक्ष पयली कुदळ मारून रेल्वेचे रूळ घालपाच्या कामाक सुरवात केली. मुंबय तें ठाणे हो भारतांतलो पयलो रेल्वेमार्ग तयार केलो. १६-४-१८५३ दिसा ह्या रेल्वेच्या रुळावयल्यान पयली रेल्वे गेली. व्ही. टी. (व्हिक्टोरिया टर्मिनल) स्टेशनार रेल्वेच्या डायरेक्टरांचे पुतळे आसात. तातूंत नानांचो अेक अर्धपुतळो आसा.

नानालें समाजकार्य : सतीची चाल बंद केली

पयलीं भारतांत सतीची चाल आशिल्ली. सती म्हळ्यार घोव मेल्ले बायलेन घोवाचें प्रेत लासता आसतना त्या अुज्यांत अुडी मारून जीव दिवप; स्वःताक लासून घेवप. नानाक हे रानटी, क्रूर चालीचो राग येतालो. योगायोगान सरकारानूय ही चाल बंद करपाची थारायली. ह्यावेळार नानान ही चाल कायमची बंद करपाखातीर सगले तरेची मदत केली.

जातीभेदाक विरोध

पयलीं भारतांत जातीभेद खूब आशिल्लो. पेशवाईच्या काळांत तर ह्या जातीभेदांनी कळस गाठलेलो. (आज लेगीत अुत्तर भारतांत म्हारांक लासून मारतात.) बाकिच्या भुरग्यांमदीं बसून तांकां शिक्षण घेवपाक मेळनाशिल्लें. नानाक हें आवडनाशिल्लें. नानान हे गजालीक सामको विरोध केलो. नानाच्या फाटल्यान महात्मा ज्योतीराव फुले, महात्मा मोहनदास करमचंद गांधी ह्या लोकांनी हें कार्य हातांत घेतलें. नानाचे हे करणेक लागून 'प्रभाकर' नांवाच्या मराठी पत्रान नानाची टीका केली. पुण नानान ताची पर्वा करिनासतना आपलें कार्य चालूच दवल्लें. लोक कितेंय म्हणूं, आपले सद्‌सद्‌विवेक बुद्धीक पटलें म्हणजे जालें, अशें नाना मानतालो.

शंकरशेट दवाखानो

नानाच्या वेळार त्या काळांतल्या दुयेंसाचेर वखदां मेळटाली आनी लोक बरे जाताले हें खरें आशिल्लें. तरी लोकांकडेन वखदां हाडपाक पैशे नासताले. वेळार वखदां हाडपाक मेळनाशिल्लीं. आनी लोक मरताले. हाचेर नानान अेक अुपाय सोदून काडलो. आपणालो बापूय भौमानेस्त शंकरशेट हांच्या नांवान फुकट दवाखानो काडपाचें थारायलें. दवाखानो अुगडलो आनी लोकांक तपासपाक दोतोर आनी वखदां दिवपाक मनीस दवल्ले. ताडदेव, महालक्ष्मी, गिरगांव, वाळकेस्वर ह्या भागांतल्या लोकांक हाचो अुपेग जातालो. माडगांवकार ह्या लेखकान 'मुंबअी वर्णन' ह्या आपणाल्या पुस्तकांत ह्या दवाखान्याविशीं बरयलां कि, हांगसून दर म्हयन्याक ३०० रोगी वखदां घेवन वताले.

फुडें नानान तीस हजार रुपयांची देणगी दिली आनी हाच्या कळंतरांतल्यान हो दवाखानो चालू दवल्लो. १९२१ वर्सा नानाच्या वंशजान तीस हजार पांचशे रुपयांचे रोखे यमुनाबाअी नायर हॉस्पिटलाच्या चालकांकडे दिवन भौमानेस्त शंकरशेट हांच्या नांवान अेक खाट फुकट दवरपाची वेवस्था केली. आज लेगीत गरिबांक हाचो फायदो मेळटा.

नानालें राजकारण

१८३४ ह्या वर्सासावन भारतियांची जे. पी. म्हणून निवड करताले. १८३४ ह्या वर्सा सावन जे. पीची जी खास समिती नेमताले ते समितींत नाना आसतालेच. नानालें नगरपालिकेतलें काम खूब म्हत्वाचें. मुंबय शार सुदारपाक ताणी मोलादीक वावर केला हातूंत मात्तूय दुबाव ना.

राजकीय संस्थेची स्थापना

संवसारांत कितें चलता, फ्रान्स, अमेरिका, आदि देशांत कशी क्रांती जाली, लोकांनी आपणाल्या देशाचो राज्यकारभार आपल्या हातांत कसो घेतलो हें शिक्षणावरवीं लोकांक कळटालें. त्या राज्यांत लोक लोकांखातीर कायदे करतात आनी राज्य चलयतात आनी भारतांत तर कितेंय करतले जाल्यार पयलीं अिंग्लिशांची परवानगी घेवंची पडटाली. भारतियांक तर हांगच्या कायदेमंडळांत प्रवेश नाशिल्लो. भारतांतल्या कायदेमंडळांत भारतियांक प्रवेश मेळचो आनी भारतियांनी भारतियांखातीर कायदे करचे यापासत नाना, दादाभाअी नौरोजी आदि लोकांनी यत्न करपाचें थारायलें.

१८-८-१८५२ दिसा ह्या विशयाचेर विचार करपाखातीर नानान आपल्या वाड्यांत अेक सभा घेतली. अुपरांत २६-८-१८५२ ह्या दिसा 'अेलफिन्स्टन अिन्स्टीट्यूट' च्या सभाघरांत नानाच्या अध्यक्षतेखाल अेक सभा जाली आनी 'बॉम्बे असोसिअेशन' नांवाची पयली राजकीय संस्था स्थापन केली. १८८५ वर्सा हिका राष्ट्रीक सभा (काँग्रेस) म्हणून वळखूंक लागले. अशेतरेन नाना हो भारतीय काँग्रेसचो संस्थापक जालो.

भारतियांची गाराणीं सरकारच्या कानार घालप, तांचीं दुःखां, आडी-आडखळी सरकाराक कळोवप आनी हे प्रश्न सोडोवपाची सरकाराक विनंती करप; हें ह्या संस्थेचें सुरवातीचें काम आशिल्लें. मानवतावादी, अुदारमतवादी, परोपकारी, दीनदयाळू अशा कांय अिंग्लिशांनी लेगीत हे संस्थेक आपलो पाठिंबो दिलो.

परदेशांत शाखा

बॉम्बे अॅसोसिअेशनची अेक शाखा अिंग्लंडांत अुगडली. नानाचे जायते युरोपीयन अिश्ट रिटायर जावन अिंग्लंडाक गेल्ले. डॉ. डॅन्बी सेमूर, जॉन डिकीन्सन सारखे अिश्ट नानाक मेळिल्ल्यान, तांच्या आदारान ह्या शाखेचें कामकाज सुरू केलें. 'अिंडिया रिफॉर्म अॅसोसिअेशन' अशें हे शाखेक नांव दिल्लें. संस्थचो खर्च भागोवपा खातीर ल्हान ल्हान पुस्तकां छापलीं. नाना मुंबयच्यान तांका पैशे आनी माहिती धाडटालो. डॉ. मन्सूर तर थंयच्या लोकांची मनां बदलपाचें काम करतालो आनी सगल्याक दौरे काडटालो. मुंबयच्यान हे संस्थेक धा-बारा हजार रुपया धाडिल्ले.

१८५७ वर्सा मंगल पांडे ह्ाणें सार्जंटाक गुळी घातली आनी भारतीय स्वातंत्र्य युद्धाची ज्योत पेटयली. १-११-१८५८ वर्सापासून भारतांत अिंग्लंडच्या राणयेचें राज्य सुरु जालें. राणयेन भारतियांक खूश करपाक लागून जायतीं आश्वासनां दिलीं.

कायदेमंडळांतलें नानाचें कार्य

१८६२ वर्सा ५ भारतीय लोकांच्यो नेमणुको करपाचो कायदो आयलो. नाना अुर्फ जगन्नाथ शंकरशेट, रुस्तमजी जमशेटजी जिजीभाई, शेट प्रेमाभाओी हेमाभाओी, सावनूरचो नबाब, माधवराव विठ्ठल विंचूरकर ह्यांच्या कायदेमंडळांत नेमणूको केल्ल्यो.

बाल गुन्हेगारांचो प्रश्न

डॉ. ब्यूस्ट आनी डेव्हीड सासून आदि गृहस्थांक नानान मदत केली. १९५० त गुन्यांवकारांखातीर अुद्योग शाळा स्थापन केली. आतां कायदेमंडळासमोर असो अेक प्रश्न अुपस्थित जालो. हे अुद्योगशाळेंतल्यान पळून वतल्यांक कादयेंत घालपाचें सरकारान थारायलें. त्यावेळार नानान तांकां विरोध केलो. त्या भुरग्यांक परत अुद्योगशाळेंत धाडून थंयच तांकां ख्यास्त दिवपाक सांगलें. ते स्वत:च्या पांयार अुबे रावपाक शकतात असो उद्योग तांकां शिकोवपाक सांगलें.

पोसक्यांक संरक्षण

लग्नाअुपरांत भुरगीं जायना जाल्यार पोसको घेवन घराचो वंशदीप पेटोवपाची रीत हिंदू शास्त्रांत आसा. म्हातारपणांत पळोवपी कोणूय तरी आसूंक जाय म्हणूत पोसको घेवपाची प्रथा सुरू जाल्ली. पोसक्यांच्या अज्ञानाचो फायदो घेवन लोकानी तांकां फटोवचें न्हय, नागोवचें न्हय अशें नानाक दिसतालें. दुसऱ्यांक नागोवपाची वृत्ती भौवतेक लोकांच्या रक्तांतूच आसता म्हणून नानान पोसक्यांक संरक्षण दिवपाचो कायदो तयार केलो.

जुगार

जुगार, मटको खेळून खूब पैशे मेळटात अशें दिसलें तरी त्याच बराबर आशिल्लें - नाशिल्लें सगलें वता हेंवूय खरें. महाभारतांत द्यूत खेळांत पांडव हारले. राज्य आनी पैशेच न्हय तर पांडवानी आपणाली बायल द्रौपदी लेगीत पणाक लावन व्हगडायली. लोकांची अशी दुर्दशा जावंची न्हय, फक्त मुंबय पुरतो जुगार बंद करनासतना संबंद मुंबय राज्यांतलो जुगार सट्टो बंद करपाचो कायदो नानान केलो.

वकिलांक संरक्षण

१८६० वर्सा देशी वकिलांक "स्मॉल कॉज कोर्टांत" आपणालो वेवसाय चलोवपाची परवानगी दिल्ली. १८६२ त ह्या कायद्यांत सुदरावणी करपाचो अेक थाराव आयलो. ह्या थारावात बॅरिस्टर लोकांच्या हक्कांची राखण करपाची वेवस्था केल्ली. पुण देशी वकिलांचो अुल्लेख तातूंत नाशिल्लो. अशे तरेन देशी वकिलांक कडेक सारपाचो अिंग्लिशान यत्न केलो. नानान अिंग्लिशांलो हो दाव वळखलो आनी अेक अुपसुचना मांडली, ती अशी – हो कायदो पास जातलो ते तारखेमेरेन वो त्याअुप्रांत 'स्मॉल कॉज कोर्टांत' आपणालो वेवसाय करतल्यांचे हक्क केन्नाच काडून घेवचे न्हय. अशे तरेन नानान देशी वकिलांक नवी संदमेळोवन दिली.

नानाक मारपाचें कारस्थान

जाचेकडेन जें ना तें दुसऱ्याकडेन पळयतकच तांकां तांचेविशी द्वेश निर्माण जाता. आपणें तें योग्य मार्गान मिळोवपाचो वावर करपाचो सोडून तो त्या मनशाक ना करपाचें थरयता आनी आपणाल्या दुबळेपणांत समाधान मानपाचो यत्न करता. हो मनशाचो स्वभाव आसा.

नाना सगळे नदरेन मोठो मनीस आशिल्लो–गिरेस्तकाय, शिक्षण, मानपान, अधिकार ह्या सगळ्या गजालींनी. ह्या तांच्या व्हडपणाची लोकांक नसाय जाली आनी ते नानाक मारपाचो यत्न करूंक लागले. तेखातीर ताणी तांच्याआड अेक कारस्थान रचलें.

महाराष्ट्रांत अिंग्लिशांआड बंड करून पेशव्यांक, तांचें गेल्लें राज्यपद दिवपाचो यत्न कांय जाण करताले. नानासाहेब पेशव्यांचो अेक अेजंट बैराग्याच्या वेशांत भोंवून लोकांकडचे पैशे अेकठांय करता अशें नाटक करतात. ताका पकडटात आनी ताची झडटी घेतात. हे झडटेंत मुंबयचे नाना शंकरशेट हांच्या नांवाची अेक पन्नास हजारांची हुंडी सापडटा. ही अेक बनावट हुंडी कोणेतरी नानाच्या नांवान केल्ली. अखेरीक सत्य भायर सल्लें. ह्या कटाचो मुखेल आशिल्लो पोलिस सुपरिटेंडेन्ट कॅप्टन नटल हें सिद्ध जालें आनी बैराग्याच्या रुपान भोंवतल्या रावसाहेबाक फांशी दिली.

नानाचें स्मारक

नानाचें मोठेपण सगळे मानताले. नानाच्या ह्या महान राष्ट्रीक, सामाजीक आनी मानवतावादी, उदार कार्याबद्दल अुपकारी भावनेन नानाचो सत्कार करपाचो तांच्या बरेंमागत्यांनी थारायलें. तांकां इश्टूय आशिल्ले.

९-३-१८६४ दिसा नानाचें स्मारक अुबारपाखातीर सर जमशेटजी जिजीभाई हांच्या अध्यक्षतेखाला मुंबयच्या टाऊन हॉलांत अेक सभा जाल्ली. नानाचो अेक पुतळो करपाचें हे सभेत थल्लें. ते सभेंत २५ हजार रुपया जमले. लंडनांतले प्रसिध्द शिल्पकार श्री. मॅथ्यू नोबल हांचेकडेन हें काम सोपयलें.
३०-७-१८६५ दिसा नानान आपली जीवन यात्रा सोपयली. मागीर २ मार्च १८७० ह्या दिसा हो पुतळो मुंबयत हाडलो. पुतळ्याचे मेकळे भाग जुळोवन तो मुंबयच्या अितिहास प्रसिद्ध टाऊन हॉलांत दवल्लो.

हो पुतळो नानाच्या म्हान कार्याची याद करून दिता आनी आमकां अशें म्हान कार्य करपाचो संदेश दिता. तांच्या मोठेपणाची याद जातकूच आमचे दोनूय हात जोडटात, तांचे स्मृतीक नमस्कार करता.

★ ★ ★

राजहंस वितरण
बर्‍या पुस्तकांची पंगत ! धरा आमची संगत !!